**रानांतली अळमीं मोठ्या प्रमाणात तोडची न्हय**

**जैवविविधताय मंडळाची लोकांकडेन मागणी**

ता. 10 जुलय 2025

गोंय राज्य जैविकविविधताय मंडळान पावसात रानांतल्या रोयणींचेर उगवपी अळमीं मोठ्या प्रमाणात न काडपाची लोकांकडेन मागणी केल्या. अळम्यांच्या जातींचो सांबाळ करपा खातीर लोकांनी रोयणींचेर पन्नास टक्के अळमीं दवरची. रानांत रोयणींचेर उगवपी अळमीं मोठ्या प्रमाणात तोडिल्ल्यान पर्यावरणाचो समतोल बिघडटा. आयज अनेक अळम्यांच्यो जाती नश्ट जाल्ल्यो आसात. तशेंच पुराय वाड न जाल्ली बारीक अळमीं काडिल्ल्यान फुडल्या वर्सांनी अळमीं उगवपाचे प्रमाणय कमी जायत वता. फुडल्या वर्सा अळमीं येवपा खातीर पुराय वाड जाल्ली अळमीं रोयणीचेर कुसपाक जाय आनी मातयेत विघटन जावपाक जाय. तशेंच अळम्यांचे बारीक कळे काडपाच्या प्रकाराक लागून रोयणींतल्या वाळटीच्या अळ्यांकय धोको निर्माण जाता आनी पर्यावरणाचो समतोल बिघडटा. पर्यावरणाचो समतोल बिघडिल्ल्यान माकड जोरा सारखो संसर्ग पातळपाचीय शक्यताय आसता.

खाजगी रान मालकांनीय आपल्या रानांतल्या रोयणींचेर उगवपी अळम्यांच्या जातीचो सांबाळ करपा खातीर यत्न करचे अशेंय मंडळान मागला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/596

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.